प्रादेशिक खबरो 06.05.2025 @ 7.25 am

गणेश 110

तांत्रीक शिक्षण संचालनालय वैजकी, अभियांत्रिकी, फार्मसी, वास्तुशिल्पकला,आयुर्वेदीक तशेंच हेर वेवसायीक अभ्यासक्रमाच्या प्रवेशाचे अर्ज बुधवार, ७ मे सावन स्वीकारतले. ७ मे ते १६ मे २०२५ ह्या काळांत अर्ज स्विकारतले.वैजकी (एमबीबीएस), अभियांत्रिकी (बीई), फार्मसी, आयुर्वेदीक, होमीओपथीक ह्या पदवी अभ्यासक्रमाची प्रवेश प्रक्रीया तांत्रीक शिक्षण संचालनालया वतीन जाता. वैजकी, दंत, आयुर्वेदीक, होमीओपथीक ह्या अभ्यासक्रमा खातीरचो प्रवेश नीट परीक्षेच्या गुणांचेर आदारून आसा. अभियांत्रिकी अभ्यासक्रमाचो प्रवेश जेईई परीक्षेच्या गुणांचेर आधारून आसतलो. नीट परीक्षा आयतार ४ मेक जाली. गोंयच्या ५ हजार विद्यार्थ्यांनी नीट परीक्षा दिली. प्रवेश परीक्षांचे निकाल जाहीर जाले उपरांत पात्रताय आनी गुणवत्ता वळेरी जाहीर करतले. हाच्यो तारखो वेळा प्रमाण जाहीर करतले. अशी म्हायती तांत्रीक शिक्षण संचालनालयाच्या सुत्रां कडल्यान मेळ्ळी. वैजकी, अभियांत्रिकी, फार्मसी आनी हेर मेळून वेवसायी अभ्यासक्रमां खातीर राज्यांत सुमार अडेज हजार सुवातो आसात.

UIDAI १००

भारतीय युनिक आयडेंटिफिकेशन ॲथॉरिटी UIDAI न/ नवी दिल्लीत जाल्ले राष्ट्रीय पात्रताय सह प्रवेश परिक्षा नीट (यूजी) 2025 वेळार चेहऱ्या प्रमाणीकरणाच्या वापराचेर / संकल्पन पुरावो (पीओसी) यशस्वीपणान पार केलो. काल नॅशनल टेस्टिंग एजन्सी एनटीएन ही परिक्षा घेतली. भारतांतल्या एका व्हडल्या प्रवेश परिक्षे खातीर उमेदवारांची वळख तपासपा खातीर आधार आदारीत चेहऱ्या प्रमाणीकरणाची कार्यक्षमताय आनी परिणामकारकतेचे मूल्यांकन करपाचो हेतू पीओसीचो आशिल्लो.

हो उपक्रम राष्ट्रीय म्हायती केंद्र NIC आणि NTA हांच्या सहकार्यान चालीक लायला, जो प्रगत बायोमेट्रीक तंत्रज्ञान वापरून परिक्षेची सुरक्षा आनी उमेदवार सत्यापन प्रक्रिया वाडोवपाचे दिकेन म्हत्वाचें पावल आसा. पीओसी वेळार दिल्लींतल्या काय वेंचिक नीट केंद्रांनी आधार मुखामळ प्रमाणीकरण तंत्रज्ञान वापरलें आनी एनआयसीच्या डिजिटल मुळाव्या साधनसुविधां कडेन आनी एनटीएच्या परिक्षा प्रोटोकॉलांत एकठांय केल्लें.

प्रसाद 160

फोंडेच्या इतिहासाचो साक्षीदार आशिल्ल्या मर्दनगडाचेर 11 मे क मर्दनगड अभियान फोंडा, गोवा मराठी अकादेमी फोंडा तालुका समिती, अपरंत आस्मिता, विद्या वृद्धी संस्था आनी मर्दनगड स्पोर्ट्स क्लब हांच्या जोडपालवान वॉकिंग टूर कार्यावळ घडोवन हाडल्या. छत्रपती संभाजी महाराजाची जयंती मनोवपा खातीर अशे तरेचे जायते उपक्रम आयोजकांनी चालीक लायल्यात आनी मर्दगडाचो इतिहास सामान्य लोकांक आनी विद्यार्थ्यांक वळख करून दिवपाक हाजी मदत जाता. 6 डिसेंबर सोळाशे त्र्याशी वरसा छत्रपती संभाजी महाराजान नागजर फोंडा हांगाचो जर्जर कोट किल्लो मर्दगडाक स्थलांतरीत केल्ल्याची गोमंतकाच्या इतिहासांत नोंद आसा. पोर्तुगेजांनी स्वताचे सुरक्षेखातीर मर्दांगड मोडून ताच्या फातरांचो उपेग पोरनो बोरी पूल बंदपाक केलो पोरन्या बोरी पुलाची कमान आयज लेगीत हाची गवाय दिता . ह्या किल्ल्या भोंवडेच्या कार्यावळींतल्यान दरेकल्याक मर्दान किल्ल्या विशीं चड जाणून घेवपा खातीर व्यक्तिगतपणान भेट दिवपाची संद मेळटली.आयतारा, 11 मे क सकाळीं 6:30 वरांचेर रान विभाग संकुलांतल्यान मर्दान किल्ल्याची भोंवडी सुरू जातली, इतिहास विद्वान ह्या कार्यावळींत वांटो घेतले आनी म्हायती दितले. जिज्ञासू इतिहास मोगींनी आनी विद्यार्थ्यांनी ही भांगराळी संद मेळोवपा खातीर बेगीन नोंदणी करची अशी विनंती आयोजकांनी केल्या.

सुशांत 110

पहलगाम हल्ल्या उपरांत देशभरांतल्या अनवळखी व्यक्तींची पुलिसांनी तपासणी सुरु केल्या हेच फाटभुंयेचेर 26 एप्रील ते 4 मे मेरेनच्या 9 दिसांच्या काळांत दक्षिण गोंय पुलिसांनी दक्षिण गोंयांत 200 कोम्बींग कारवायो करताना 11 हजार 930 लोकांची तपासणी केल्या.

दक्षिण गोंयांत वट्ट 17 पुलीस स्टेशनांतली मुखेलपणान मडगांव, वास्को, काणकाण आनी फोंडा अशीं चार मुखेल पुलीस स्टेशनां आसात. आयतारा फक्त एका दिसांत केल्ल्या कोम्बींग कारवायांनी वट्ट 164 जाणांची तपासणी केल्ल्याची म्हायती दक्षिण गोंयचे पुलीस अधीक्षक टिकम सिंग वर्मा हांणी दिली.

ह्या काळांत दक्षिण गोंय पुलिसांनी वेगवेगळ्या हॉटेलांनी रावपी पर्यटकांचीय तपासणी केली. ह्या काळांत 423 हॉटेलांची तपासणी करून थंय रावपी 315 विदेशी नागरिकांची चवकशी जाली. मजगतीं, दक्षिण गोंयांत 123 काश्मीरी मेळ्ळयात अशी म्हायती वर्मा हांणी दिली.

तापमान **40**

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल तापमान 36.1 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान **25.8** डिग्री सेल्सिअस आनी हवेतली आर्द्रता **74 %** नोंद जाला**.** राज्यात फुडले सप्तकात **35-28** डिग्री सेल्सिअस तापमान आसतले आणि हवामान वताळ आसतले अशे वेधशाळेन कळीत केला

राजेश 60

दिवचल तालुक्यात शिरगावच्या श्री लयराई देवीची कौलां भक्ती भावान आणि शांततायेन सुरू जाल्या. जत्रेत झाल्या खेटाखेटी उपरांत गोंय सरकार तशेच श्री लयराई देवस्थान समिती ह्यांच्या जोडपालवान कौलां उत्सव बरे तरेन आणि सुरळईतपणान सुरू जालो. खबरदारीचो उपाय म्हणून देवीचे चौगुले ,महाजन तसेच देवस्थान समिती यांच्या हजेरीत आज देवी परत देवळात वचपाचो सुवाळो जातलो.

हेर भाविकांक हेवेळार मनाय आसतली अशें देवस्थानचे अध्यक्ष दीनानाथ गावकर हाणीं सांगले.

DIP 35

अस्नोडा उदका प्रक्रिया प्रकल्पाचे दुरूस्ती करपाचे आशिल्ल्यान ता. 7 आनी 8 मे 2025 दिसा पुराय बार्देस तालुको आनी दिवचल तालुक्यातल्या कांय वाठारांत मर्यादीत उदका पुरवण जातली. गिरायकांनी ह्या गैरसोयिची नोंद घेवची, अशें उदका पुरवण विभागान कळीत केला.